<u>आकाशवाणी पणजी</u>

<u>प्रादेशिक खबरा</u>

Date :14/01/2026 7.20 pm

<u>मुखेल खबरो</u>

- मनरेगा येवजनेखाला निधी मेळोवपाची प्रक्रिया आता सोपेरीतीन जाल्या जी कामगारांक तांचे कश्टचे पयशे मेळपाची खात्री करून दिता अशें भाजपाध्यक्ष सदानंद शेत तनावाडे हांणी स्पश्ट केलें.
- मये मतदारसंघात 80 टक्के कामा पुराय जाल्यात जाल्यार उरील्ली 20 टक्के कामा ह्या म्हयन्याभितर पुराय जातली अशे आस्वासन जलस्त्रोत खात्याचे मंत्री सुभाश शिरोडकार हांणी दिला.
- म्हाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांचे समुउपदेशन करपी समुउपदेशक नेमपाची प्रक्रिया सरकारान सुरु केला अशी म्हायती मुखेलमंत्रांनी दिल्या.
- मुरगाव बंदर प्राधिकारणाच्या 10- आनी 11 बर्थाचेर पर्यावरणीय तशेंच भलायीकचे नेम पाळी नासतना येरादारी करतात हाका लागुन ह्या वाठारात भलायकेचे प्रस्न उप्रासल्यात अशे मुरगांचे आमदार संकल्प आमोणकार हांण सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले.
- १६ जानेवारी हो ओपिनीयन पोल दीस राज्यभर अस्मिताय दीस म्हूण मनोवचो अशें राज्य सरकारान जाहीर केलां.

१६०

गोंयच्या गांवगिऱ्या वाठारांतल्या उदरगतीची गती आनी रोजगार संद हे विशीं भासाभास करपा खातीर आयज मापुसा शारांत म्हत्वाची पत्रकार परिशद जाली. भाजपाध्यक्ष आनी राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेत तनावाडे हांणीसरकाराच्या मनरेगा येवजणे विशीं सरकाराची भुमिका मांडून फुडारा खातीर आपले विचार मांडले .कैंद्रांतलें मोदी सरकार गांवगिऱ्या भारताक सशक्त करपा खातीर पुरायपणान बंदील आसा. मनरेगा येवजनेखाला निधी मेळोवपाची प्रक्रिया आता सोपेरीतीन जाल्या जका लागून कामगारांक तांचे कश्टचे पयशे वा भत्तो कळाव करिनासतना थेट खात्यांत मेळपाची खात्री करून दिल्या अशें तांणी स्पश्ट केलें. विरोधी पक्ष ह्या विशयाचेर राजकारण करता अशें तनावाडे हांणी स्पश्ट केलें. लोकां मदीं गोंदळ पातळावचो न्हय अशें तांणी विरोधकांक आवाहन केलें.मनरेगा आतां फकतफोणकुला पुरती मर्यादीत ना हे येव्जणेन आता गांवांनी मालमत्ता निर्माण जावपाक

लागल्या. गांवगिरे रस्ते आसूं, उदक संवर्धन करपा खातीर उदकाचे कुडके बांदप आसूं वा कम्युनिटी हॉल आसूं-मनरेगा येव्जण आता  गांवांत बदल घडोवन हाडटा.राज्यांतल्या लोकांनि  हे येवजणेचो चडांत चड लाव घेवन स्वताची नोंदणी करची अशें आवाहनताणी केलें. गोंयांतल्या दरेका पंचायतीनि  ही येवजण प्रभावीपणान चालीक लायता अशें सांगून तांणी राज्य सरकाराची तोखणाय केली.

१५०

शिक्षणाचो ताणान आत्महत्या करपाच्या प्रकरणात वाड, घुवळी वखदांच्या सेवनाची राज्यात वाडटी प्रकरणा,  अपगाताच्या प्रमाणात  वाड, बायलांचेरं  जावपी गुनहयावात  वाड, चोरी, घरफोडी, तशेंच हेर  गुन्हयावांची प्रकरणा गोयात  वाडला. हया सगळ्याविंशी सराकर किते उपाय येवजण करता काय असो प्रस्न  आमदाक  कार्लुस फरेरा हांणी केल्लो. जाल्यार गुन्हयावाच्य वाडट्या आकड्याची वळेरी वाचुन दाखोवन  हया गुन्हायावाच्या फांटभुयेंर गोंय हे आता murder capital  जाला असो आरोप केलो. हयावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी जाप दितना  राज्यात 86 टक्के गुन्हायावचो छडो लववपाक  पुलिशेक येस आयला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. हे शिवाय म्हाविद्यालयीन  विद्यार्थ्याचे समुउपदेशन करपी समुउपदेशक नेमपाची प्रक्रिया सरकारान सुरु केला अशी म्हायती तांणी दिल्या. बिटस पिलानी ही  राज्य सराकराच्य अखत्यरेखीत येना, मात हालीच थंय जाल्या विद्यार्थ्यांच्या आत्महत्येच्या फांटभुयेंर  सराकारन थंय पाच समुउपदेशक  नेमपाचो निर्णय गेतिल्याची म्हायती तांणी दिल्या. गोंय राज्य शिक्षण उदरगत  म्हामंडळावतीन mental health policy शऐक्षणिक  संस्थानी कसा पद्दतीन लागु करु येता ताचो  नियाळ घेवप  सुरु आसा अशी म्हायती हयावेळार  मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

रश्मी १६५

गोंय जलस्त्रोत खात्यावरवी मये मतदारसंघात 113 वेगेवगळ्या  प्रकारच्या कामांक  मंजुर दिल्या. हातुंल्ली 80 टक्के कामा पुराय जाल्यात जाल्यार उरील्ली 20 टक्के कामा हया म्हयन्याभितर पुराय जातली अशे आस्वासन  जलस्त्रोत खात्याचे मंत्री  सुभाश शिरोडकार हांणी दिला. 10 फेब्रुवारीक नार्वे पम्पं हावसाचे उक्तावणाची कार्यावळ आसा. हयावेळार वाळवंटी न्हंयचो गाळ उसपुपाचे काम तशेंच दिवचल न्हंयच्या काठार राखणे वणत बांधपाच्या कामाच्य स्थितीचो नियाळ घेवंन ही कामा बेगोबेग चालीक लावपाचे आदेश दिता अशे ताणी सागंले.  मये मतदारसंघ हो शेतीखातीर पोशक असो वाठार . हांगा बऱ्या तऱ्हेन उदका पुरवणाचे स्त्रोत आसात. ताका लागुन मयेच्या लोकांनी शेता रोवपाक तशेच वेगेवगळी

पिकावळ घेवपाक मुखार सरचे. मये मतदारसंघाच्या  लोकसंख्येतली 30 टक्के लोकसंख्या ही शेती वेवसाय करपी आसा अशे सुभाश शिरोडकार हांणी म्हणला. मयेचे आमदार  प्रेमेंद्र शेट  हांणी  मये मतदारसंघात  मंजुरी  दिल्ल्या प्रकल्पाचे काय अपुर्ण कामांची सध्य स्थिती, तशेंच  वाळवंटी न्हयेतलो गाळ उसपप आनी  दिवचल न्हंयच्या देगेर  राखणे वणत  बांधपाचे काम सरकार  केन्ना मेरेन सुरु करतले काय असो प्रस्न  जलस्त्रोत खात्याचे मंत्री सुभाश शिरोडकार हांका केल्लो. हया प्रस्नाक जाप दितना मंत्री सुभाश शिरोडकार हांणी संबंधित  म्हायती दिल्या.

१४०

मुरगाव बंदर प्राधिकारणाच्या 10- आनी 11 बर्थाचेंर पर्यावरणीय तशेंच भलायीकचे नेम पाळी नासतना येरादारी करतात. हाका लागुन हया वाठारात वाऱ्याचे तशेंच  भलायकेचे प्रस्न उप्रासल्यात, थळाव्या नागरीकांक श्वास घेवपाक  त्रास जाता. हो बोक्सायट बेळगाव वता, मात तो धापून वा उदकाचे  शितोडे मारुन वरपाचो नेम हया येदरादारी वेळार  पाळीनात अशे  मुरगांचे आमदार  संकल्प आमोणकार हांण शुन्य वराक  सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले.

कुठ्ठाळेचे आमदार आन्तोन वाझ हांणी विधानसभा वेचंणुकापयली आदिवासी राखीवतेचे काम पुराय जातले काय ना असो प्रस्न शुन्य वरा केला.  हे विंशी काम सुरु आसा अशी म्हायती आदिवासी कल्याण खात्याचे मंत्री रमेश तवडकार हांणी दिल्या.  पर्येची आमदार दोतोर  देविया राणे हिणे  सोरो पिवन गाडयो चलयिल्लयान अपघाताचे प्रमाण वाडला, अशेगाडी चलावप्यान्चेर खर कारवाय करची अशे सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले.  सांत आंद्रचे आमदार  विरेश बोरकार हांणी खाझन शेतीनी खारे उदरक  घुसपाच्या प्रकरणाचो  महसुल खात्यान नियाळ घेवन शेतकारांची संबंधित  समस्या जाता तितल्या बेगीन सुटावे करची अशी मागणी केली.

जाण ५०

फोंडा तालुक्यातल्या सावयवेरें गांवचे संजय पाटील फाटली कितलीशींच वर्सा पारंपरीक पद्धतीन शेती करतात. उदकांचो इबाड आनी जमनीची धूप जायनासताना सैमिक शेती - बागायती करपी शेतकार म्हूण ताणी नामनां जोडल्यात. तांच्या वावराची दखल घेवन भारत सरकारान तांका पद्मश्री पुरस्कारान सन्मानित केल्यात. सैमिक शेती कशी लावकारक आसता हाचे विशी तांणी दिल्ली ही म्हायती

बायट - संजय पाटील

१६ जानेवारी हो ओपिनीयन पोल दीस राज्यभर अस्मिताय दीस म्हूण मनोवचो अशें राज्य सरकारान जाहीर केलां. ह्या निमतान सगळ्या सरकारी आनी अनुदानीत माध्यमिक शाळांनी ह्या दिसा गोंयचे सांस्कृतिक दायज दाखोवपी कार्यावळी आंखच्यो अशें शिक्षण संचालनालयान मागलां. भाशणां , चर्चासत्रां , गीत गायन , वादविवाद अशा वेगवेगळ्या कार्यावळींचो तांतून आसपाव आंसू येता अशे शिक्षण संचालनालयान उजवाडायल्या परिपत्रकांत म्हळां.

रस्ते खणटकुच ते परत पयलीबशेन दुरुस्त करुन दिवप ही रस्ते खणील्या त्या विभागाची वा खात्याची जापसाल दारकी आसतली. ह्यानफुडे रस्ते खणुन ते बाबात  स्थितिन दवरुंक  मेळचे ना अशे विधान आयज  भौशिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी म्हणला. वास्कोचे आमदार कृश्णा साळकार हांणी लायटीचे, तशेच सिवरेज वा वीज खात्यावतीन लायनी घालपाक  रस्ते खणटात खरे मात  ते रिपेर  करीनात. ताका लागुन रस्त्याची परीस्थिती  बाबत जाता.  भौशिक बांधकाम खाते हो प्रस्न कसो सुटावो करतलो काय असो प्रस्न मंत्री दिगंबर कामत हांका केल्लो. त्या प्रस्नाक जाप दितना  मंत्री दिगंबर कामत  हांणी रस्ते खणुन तशेंच दवरपी खात्याआड कारवाय जातली अशे म्हणला.ह्यावेळार विजय सरदेसाय हांणी राज्यातल्या रस्त्याची gis based utility mapping करपाची सुचोवणी आमदार विजय सरदेसाय हांणी दिल्या. जाल्यार  विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी digital artificial intelligence यंत्रणेचो उपेग करुन रस्त्याची कामा करची अशी सुचोवणी केली.  रस्ते खणुन  लायनी ओडपाच्या  कामाखातीर खात्यांचो एकमेकाकडे समन्वय नाशिल्यान रस्त्याची आनीक बाबत स्थिती जाला अशे  युरीन ह्यावेळार  सांगले.   हो प्रस्न सुटावो करपाखातीर भौशिक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुखेल अभियंताच्या अध्यक्षतायेखाला  समन्वय समिती स्थापन करतले अशी म्हायती मंत्री दिगंबर कामत हांणी दिल्या

हवामान 46

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज  पणजेत चडात चड तापमान ३३.9 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २३.२  औंश  सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३३. ६ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे  तापमान

२३.०० औंश सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.

खेळ ५०

गोंय खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या दक्षिण विभागीय टेनिस बॉल क्रिकेट सर्तींत कामाक्षी माध्यमीक शाळेच्या चलयांच्या पंगडान जैत मेळयलें.

परतून एक फावट मुखेल खबरो

- मनरेगा येवजनेखाला निधी मेळोवपाची प्रक्रिया आता सोपेरीतीन जाल्या जी कामगारांक तांचे कश्टचे पयशे मेळपाची खात्री करून दिता अशें भाजपाध्यक्ष सदानंद शेत तनावाडे हांणी स्पश्ट केलें.

- म्हाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांचे समुउपदेशन करपी समुउपदेशक नेमपाची प्रक्रिया सरकारान सुरु केला अशी म्हायती मुखेलमंत्रांनी दिल्या.

- मये मतदारसंघात 80 टक्के कामा पुराय जाल्यात आनी उरील्ली 20 टक्के कामा हया म्हयन्याभितर पुराय जातली अशे आस्वासन जलस्त्रोत खात्याचे मंत्री सुभाश शिरोडकार हांणी दिला.

- १६ जानेवारी हो ओपिनीयन पोल दीस राज्यभर अस्मिताय दीस म्हूण मनोवचो अशें राज्य सरकारान जाहीर केलां.

- इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आमचे मुखावेले खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार